Panaji National 25th April 2026 8.40am

अस्तंत बंगालांत, विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमण्या टप्प्या खातीर प्रचार तेंगशेर पावला.

देशांत साऱ्याचो उणाव आशिल्ल्याचो कॉंग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी केल्लो आरोप केंद्रीय रसायन आनी सारें मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी न्हयकारला.

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन (RBI) Paytm Payments Bank Limited हांकां दिल्लो बँकिंग परवानो रद्द केला.

इराणचे विदेश मंत्री अब्बास अराघची काल रातीं उशीरा आपल्या प्रतिनिधी मंडळा बरोबर पाकिस्तानाची राजधानी इस्लामाबाद शारांत पावले.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत, काल बेंगळूरुच्या एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमचेर जाल्ल्या खेळांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळूरु न गुजरात टायटन्सचेर पांच विकेटींनी जैत मेळयलें.

WB – 130

अस्तंत बंगालांत, विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमण्या टप्प्या खातीर प्रचार तेंगशेर पावला. वेगवेगळ्या राजकीय पक्षांचे वडील फुडारी रॅली आनी रोड शो करतात. दुसऱ्या टप्प्या खातीर मतदान ह्या म्हयन्याच्या २९ तारखेर जातले.
भाजपाचे वडिल फुडारी आनी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आज पूर्व बर्धमान जिल्ह्यांतल्या जमालपूरात सेलिमाबाद तरुण संघ मैदानाचेर आनी हावडांतल्या श्यामपूर हांगा जाहीर सभांनि उलोवप करतले. तेभायर, ते हावडांत एका रोड शोतूय वांटो घेतले. उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांचीय राज्यांत वेंचणूक रॅली जातली. केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जे.पी. नड्डा पूर्व बर्धमानांतल्या बाजेप्रतापपूर हांगा 'विजय संकल्प यात्रेचे फुडारपण करतले.
दुसरे वटेन, कॉंग्रेस फुडारी आनी लोकसभेचे विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी आज हुगळींतल्या श्रीरामपूर, कलकत्ता हांगाच्या शहीद मीनार आनी मेटियाब्रुजात चार

सभा घेतले. तृणमूल काँग्रेसचे फुडारी अभिषेक बॅनर्जी बशीरहाट आनी कॅनिंग वेस्ट हांगा सभांनि उलोवप करतले.

AAP – 150

आम आदमी पक्षाक व्हडलो धपको बसला. राज्यसभेंतल्या आपाच्या दोन तृतियांशा परस चड खासदारांनी पक्ष सोडून भाजपांत प्रवेश केला. तातूंतले तीन राज्यसभा खासदार राघव चढ़ा, संदीप पाठक आनी अशोक मित्तल हांणी भाजपा मुख्यालयाक भेट दिवन भाजपा अध्यक्ष नितीन नबीन हांची भेट घेतली. 'आप' सोडून भाजपात वचपाचो निर्णय घेतिल्ले हेर चार खासदार म्हळ्यार हरभजन सिंग, स्वाती मालीवाल, विक्रम साहनी आनी राजिंदर गुप्ता. चड्डा, पाठक आनी मित्तल हांका भाजपांत येवकार दितना, नितीन नबीन हांणी सोशल मीडियाचेर केल्ल्या एक पोस्टत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला वावर करपाक तांकां शुभेच्छा दिल्यो.

सोशल मीडियाचेर केल्ल्या एका पोस्टांत राघव चड्डा हांणी माहिती दिली की, भारताच्या संविधानांतल्या तरतुदींचो उपेग करून, राज्यसभेतल्या 'आप'च्या दोन-तृतीयांश परस चड खासदार भाजपांत विलीन जाल्यात. राज्यसभेचे अध्यक्ष सी पी राधाकृष्णन हांचे कडेन सादर केल्ल्या ह्या दस्तावेजाचेर सात खासदारांनी सय केल्या अशी म्हायती तांणी दिली. चड्डा हांणी सांगलें, तांणी आनी हेर दोन खासदारांनी मेळून तीं सयो केल्ली कागदपत्रां स्वता सभापतींक सुपूर्द केली.

Fertilizers – 40

भारताची साऱ्याची सुरक्षीतताय घटमूट, स्थिर आनी सुव्यवस्थीत आसा आनी सगळ्या मुखेल साऱ्यांची उपलब्धताय सातत्यान गरजां परस चड आसा अशें सारें खात्यान सांगलां. साऱ्यांच्या उणावा संबंदीं हालींच्या काळांत केल्ले दावे तथ्यांचेर आदारीत नात अशें रसायन आनी सारें मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

Nadda Fertilizers – 70

देशांत साऱ्याचो उणाव आशिल्ल्याचो काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी केल्लो आरोप केंद्रीय रसायन आनी सारें मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी न्हयकारला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत नड्डा हांणी मोदी सरकार शेतकारां बरोबर सदांच खंबीरपनान उबें रावलां आनी देशभरांतल्या सारेंची उपलब्धताय सातत्यान गरजां परस चड आसा अशें अधोरेखित केलां. नड्डा हांणी खरगे हांच्या विधानाक शेतकारांची दिशाभूल करपाचो आनी गरज नसताना भंय निर्माण करपाचो राजकीय हेतून केल्लो प्रयत्न अशे म्हळां.

VP – 20

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आयज जयपुराक भेट दितले. हे भेटी वेळार, उपराष्ट्रपती राजस्थान विद्यापिठाच्या ३५ व्या पदवीदान सुवाळ्याक हाजीर रावतले.

Census helpline - 40

रजिस्ट्रार जनरल आनी जनगणना आयुक्त कार्यालया प्रमाण, जनगणना २०२७ खातीर देशभर 'टोल फ्री' नंबर १८५५ कार्यान्वित जाला. ह्या हेल्पलाईना वरवीं घरांची वळेरी आनी घरांच्या गणना संबंदीत मार्गदर्शन मेळटलें. ही माहिती प्रादेशिक भाशांनी आनी इंग्लीश भाशेंत उपलब्ध आसतली.

RBI – 100

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन (RBI) Paytm Payments Bank Limited हांकां दिल्लो बँकिंग परवानो रद्द केला. हे बँकेक तात्काळ प्रभावान कसलोच वेव्हार करपाक बंदी घाल्या अशे रिझर्व्ह बँकेन एका निवेदनांत सांगला. पूण, रिझर्व्ह बँकेन हें स्पश्ट केलां की, आपलो वेव्हार बंद करतना आपल्या ग्राहकांच्यो सगळ्यो ठेवी परत करपा इतली पुरेशी पुंजी पेटीएम पेमेंट्स बँक लिमिटेड कडेन आसा. रिझर्व्ह बँकेन माहिती दिली की, ही कारवाय मार्च २०२२ त दिल्ल्या आदेशां उपरांत केल्या, जातूंत बँकेक नवे ग्राहक नोंदणी बंद करपाक सांगिल्लें. त्या उपरांत २०२४ च्या सुरुवातीक हेर वेवसायिक निर्बंध घालून सद्याच्या ग्राहकांच्या खात्यांनी ठेवी, क्रेडिट वा टॉप-अप करपाक बंदी घाल्ली.

Sitharaman – 80

खास करून बँकिंग क्षेत्रांत, जेन्ना जागतिक विस्तार थळाव्या गरजां कडेन सुसंगत आसता, तेन्नाच अर्थपूर्ण उदरगत साध्य जावंक शकता हजेर केन्द्रीय वित्त मंत्री निर्मला सीतारामन हांणी भर दिलो. पुण्यात स्टेट बँक ऑफ इंडियाच्या (SBI) महाराष्ट्र प्रादेशिक थळाव्या मुख्यालयाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत ती उलयताली. बँकांची भूमिका मांडताना सीतारामन हाणी म्हळें, संस्थांचो आकार वाडलो तरीय लेगीत गिरायकां कडेन लागींचो संबंद दवरप गरजेचें आसा. डिजिटल बँकिंग आनी कृत्रीम बुद्धिमत्ता हया क्षेत्रांत बदल घडवून हाडटात तरी, मनशां मदलो थेट संवाद आनी भावनिक समज सोंपपाक जायना, अशें तांणी सांगलें.

USA Iran – 120

इराणचे विदेश मंत्री अब्बास अराघची काल रातीं उशीरा आपल्या प्रतिनिधी मंडळा बरोबर पाकिस्तानाची राजधानी इस्लामाबाद शारांत पावले. अस्तंत आशियांतले झुज सोंपोवपा खातीर इराण आनी अमेरिका हांच्या मदली चर्चा परतून सुरू करपा खातीर राजनयिक यत्न सुरू आसात. हया चर्चेत इराणच्या परराष्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते इस्माईल बाकाई लेगीत वांटेकार आसतले.  बाकाई हाणी  एका सोशल मीडिया पोस्टांत स्पष्ट केले की, इराण आणि अमेरिका मदीं खणच्याच बसकेचे नियोजन ना; तसेच, तेहरानची मता आनी हुस्के पाकिस्तानमार्फत वॉशिंग्टनपर्यंत पावयतले असेही तांणी नमूद केले.

अमेरिका लेगीत उलोवण्यां खातीर तयारी करता, आनी अमेरिकेचे खाशेले दूत स्टीव्ह विटकॉफ आनी जेरेड कुशनर चर्चे खातीर इस्लामाबादांत पावपाची शक्यताय आसा. पत्रकारां कडेन उलयतना, व्हाईट हाऊसचच्यो  प्रेस सेक्रेटरी कॅरोलिन लेविट हाणी हाका दुजोरो दिलो आनी म्हळें की हि उलोवणी  थेट जातली.

IMD – 70

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज दिल्ली, छत्तीसगड, हरियाणा, चंदीगड, मध्य प्रदेश, पंजाब, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भाच्या कांय वाठांरानी उश्णतेच्या लाटेचो'येलो अलर्ट' जारी केला. बिहार, आंध्र प्रदेशचो दर्यादेगेवेलो वाठार आनी

कर्नाटक, गुजरात, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय आनी मणिपूरच्या कांय वाठांरानी आज गरम आनी दमट हवामान आसतलें. IMD प्रमाण, दिल्ली, हरियाणा, चंदीगड, पंजाब आनी उत्तर प्रदेशाच्या कांय भागांत फुडल्या २ दिसां खातीर रातचें हवामान उश्ण आसतलें.

IPL – 70
आयपीएल क्रिकेट सर्तींत, काल बेंगळूरुच्या एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमचेर जाल्ल्या खेळांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळूरु न गुजरात टायटन्सचेर पांच विकेटींनी जैत मेळयलें. २०६ धांवड्यांचो फाटलाव करताना, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळूरु न १८.५ ओव्हरींनी पांच विकेटींच्या व्हगडावन २०६ धांवड्यो केल्यो. यजमान दिल्ली कॅपिटल्स अरुण जेटली स्टेडियमांत पंजाब किंग्सा आड खेळटले. हो खेळ दनपारां ३:३० सुरू जातलो. दुसऱ्या एका खेळांत, यजमान राजस्थान रॉयल्स जयपूरात सवाई मानसिंग स्टेडियमांत सनरायझर्स हैदराबाद आड खेळटले. हो खेळ सांजवेळच्या ७:३० वरांचेर सुरू जातलो.

Cricket – 30
बायलांच्या क्रिकेट सर्तींत, भारत आनी दक्षिण आफ्रिका हांचे मदल्या पांच खेळांच्या टी-२० मालिकेचो चवथो खेळ आज जोहान्सबर्ग हांगा जातलो. हे मालिकेंत दक्षिण आफ्रिका ३-० अशी मुखार आसा.